भरत नायक
चपलाहार

चपलाहार

भरत नायक

चपलाहार

© लेखक : भरत नायक

प्रकाशन क्रमांक : 156

1996

प्रकाशक :
प्रभाकर द. भिडे
राजहंस वितरण, 1-मीनाक्षी बिल्डिंग,
डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी - 403 001

छपाई :
राजहंस ऑफसॅट, पणजी.

मुखपृष्ठ आनी सजावट :
दीपक पेडणेकार

मोल :
1996 - 14/- रु.
1997 - 14/- रु.
1998 - 16/- रु.

ISBN 81-85854-55-6

चपलाहार

(श्रीधर खेळपाच्यो इस्पिको मांडटा. मदीं मदीं बायलेक उलो मारता.)

श्रीधर : आगे, मात्शी भायर यो पळोवया... यो गे मात्शी बेगीन...

बायल : येतां आं... ! (भितरल्यान)

श्रीधर : दाखयतां तरी... बेगीन यो म्हळ्यार...

बायल : (भायर येत) खंयचो वाग फाटीक लागला तुमचे ?

श्रीधर : यो. तुका इस्पिकांचो खेळ शिकयतां-

बायल : इस्पिको ? त्यो आनी कोणे हाडल्यो ?

श्रीधर : हांवें हाडल्यात मगे विकत्यो.

बायल : विकत्यो हाडल्यात ? कित्याक त्यो ?

श्रीधर : खेळपाक ! पळय तरी कायबरो इस्पिकांचो खेळ.

बायल : घरांत इस्पिको हाडची गरज ना आं. सांगून दवरतां. आमका नाका इस्पिकांचो खेळ. दुसरें कितेंय खेळात. हाड, दी इस्पिको म्हजेकडेन (काडूंक हात घालता. श्रीधर आडायता.) दिसान दीस भुरगेच जातात तुमी. घुलयांनी खेळून जालें, आतां इस्पिको हाडल्यो.

श्रीधर : आगे, पूण इस्पिकांनी खेळ्ळ्यार कितें जाता ?

बायल : बरो न्हय तो खेळ. पाडो. इस्पिकांचो खेळ म्हळ्यार पयशांचो खेळ.

श्रीधर : आगे, पूण आमी पयशांनी खंय खेळटात ?

बायल : नाकां. पयशांनी नाका आनी फुकटूय नाका. खेळटा खेळटा सिगार येवजता, सोरो येवजता. (परतून काडूंक हात घालता. श्रीधर आडायता.) दी हांगा, आमका नाकाच तो वाटलावणो खेळ.

श्रीधर : आगे राव गे. तुका जादू तरी दाखयतां मगे.

बायल : जादू ?

श्रीधर : इस्पिकांचो जादू.

बायल : आमका नाका जादू - बिदू कांय. आमच्या घरांत तसलें कितेंय करशात

जाल्यार खबरदार आं ? हाड, त्यो इस्पिकोच चुलींत घालतां व्हरून. (इस्पिको काडटा)

श्रीधर : आगे नव्योच हाडल्यात मगे त्यो. एकदा तरी खेळटां गे.

बायल : नाकां म्हळ्यार ती आमका विकती पिडा. इस्पिको इतल्यो नाका आमच्या घरांत. तो खेळ सोंपलो. आतां हो हाडलो. आनीक खंयच लक्ष घालू नाकात. फकत खेळात बसून बसून.

श्रीधर : बरें बाये ! उबो रावून खेळटां. दी.

बायल : हितीं फकणा केलीं की सोबलें तुमचें.

श्रीधर : आनीक कितें कर म्हणटा तर तू म्हाका ? उबगण येना घरांत बसून ? नुसतें हाडूंक वतलो म्हळ्यार आज सोमार. पालोभाजी हाडटलो म्हळ्यार तुजी सदची भाजयेकान भाजी घेवन दारांत येता. पसऱ्यार वतलो म्हळ्यार तुवें आख्ख्या म्हयन्याचो पुरुमेंत करून दवरला. म्हादेवाल्या हॉटेलार बसून टाइमपास करतलो म्हळ्यार तुज्यो पन्नास अटी - सोमारचें हॉटेलांत बसूंक जायना, च्या पिवंक जायना, हें खावंक जायना आनी तें करुंक जायना.

बायल : पोटोबा परस दुसरें कितें येवजता तर तुमका ?

श्रीधर : विठोबाक पुजलो न्हय गे सकाळीं.

बायल : जालें ! पोटोबो आनी विठोबा. आनीक तिसरें कांयच ना ?

श्रीधर : तिसरी तूं लक्षुमी. तुजी करतां पुजा, बस.

बायल : हय. फकणां केलीं, सोबलें.

श्रीधर : आगे पूण आता करूं कितें तें सांगतली काय ना ? भजन करूं तुज्या मुखार ? (ती भायर वचूंक लागता) अे... प्रिये. इकडे ये (ती येता) काय म्हणटे ? सारकें सांग पळोवया.

बायल : दोन म्हयने जायत आयले, अनिलाची कांयच खबर ना.

श्रीधर : आं... ! म्हणचें म्हाका तू लंडणाक वचून अनिलाची खबर घेवन यो म्हणटा? आज्ञा प्रमाण! (वचूंक लागता)

बायल : पुरत्तन फकणा ! अनिलाची खबर हाडपाक लंडणाक कित्याक वचपाक

जाय ?

श्रीधर : गरज ना ! फोन केल्यार सगळी खबर खिणाभितर मेळटा. (फकणाचो फोन घुंवडायता) हॅलो... मिस्टर लंडण ?

I Shridhor... Anil is ?

बायल : पुरो आतां ! चड जालें. थोडेंच करचें.

श्रीधर : अशें ? पुरो तर. (सिरियस जाता) सांग. आतां खरेंच सांग, कितें करूं?

बायल : अशेच पोस्टांत वचात आनी पत्र आयलां जाल्यार चवकशी करात.

श्रीधर : हात तुजी माल्ली शें... हॅ... चुकलों. आयज सोमार हें विसरलोंच हांव. आनीक म्हणना.

बायल : आता वतात काय ना तुमी ?

श्रीधर : आगे पूण पत्र आयलां जाल्यार तो पोस्टमेन घेवन येतलो न्हय हांगा !

बायल : हय ! म्हज्याच मोगान मेला तो ! तें हांव नकळ. तुमी वतात काय ना?

श्रीधर : वतां - वतां.

बायल : (रडवो सूर) तुमकां कितें सांगूक ? म्हाका हांगा न्हीद लेगीत पडना. एकलोच अपुरबायेचो पूत, आनी तोयबी सात समुद्रा पलतडी. कसो रावत म्हजो जीव ? तुमच्यासारकें आमचें काळीज घट ना. दोन म्हयने जाले पत्र आयल्यार. पोर म्हजो कितें खाता, कितें जेवता कोण जाणा!

श्रीधर : आगे - आगे, वता म्हणून सांगले न्हय गे. त्यो दुकांच्यो झरी कित्याक फोडल्यो ?

बायल : चलात तर, बेगीन वचून पत्र घेवन येतात.

श्रीधर : तूं कांयच हुस्को करूं नाका. हांव कशेंय करून पत्र घेवन येतांच. मात्शें पेन घेवन यो. (ती भितर वता) हिका आता होच उपाय. पत्र हांवूच बरोवन हाडटां. (ती पेन हाडून दिता.) तूं मात्शी वगी राव. दोळे पूस ते. भायर सरताना रडचें न्हय.

(सुटाबुटांतलो मानयेल दारार मारता. हातांत ब्रिफकेस)

हो पळय पोस्टमेन आयलो सो दिसता.

(दोगांय दाराकडे धांवतात. दार उगडटा.)

मानयेल : दार काय दोर ?
दोगांय : कितें ?
मानयेल : दार काय दोर ?
श्रीधर : कितें म्हण्टा रे तू ?
मानयेल : भोबो आसा ?
श्रीधर : हय. यो बस.
बायल : (कुशीक व्हरून) तुमी कितें हॉटेल घालां ? वाटेवेल्या लोकांक भोबो दिवपाक ? वळख ना पाळख.
श्रीधर : खावपाचो भोबो न्हय गे ? म्हाकां सोदूंक आयला तो. आमचें आडनांव भोबे न्हय ?
मानयेल : खुंय आसा भोबो ?
श्रीधर : भोबो न्हय भोबे. हांवूच तो.
मानयेल : म्हुटल्यार तूंच मिस्टर भोबो ?
श्रीधर : भोबो न्हय. भोबे - भोबेऽऽ ! कितें काम आशिल्लें ?
मानयेल : म्हाका हें सांग पोवया. तें दार काय दोर ?
श्रीधर : खंयचें.
मानयेल : तुमचें नांव शिरी... दोर की शिरी - दार ?
श्रीधर : दोनूय न्हय.
मानयेल : दोनूय न्हो ? म्हुणटोच तूं आनिलाचो पाय न्होय तोर !
बायल : तुमी अनिलाकडल्यान आयल्यात ?
श्रीधर : मात्शी राव आं ! हें पळय, अनिलाचो पाय हांवूच. पूण हांव शिरी - दोरूय न्हय आनी शिरी-दारूय न्हय. म्हजें नाव काय बरें सोबीत सुंदर - श्रीधर. पूण ह्या लोकांनी भयो भयो केल्यात म्हज्या नांवाच्यो. एकलो शिरीदार म्हणटा, जाल्यार दुसरो शिरीदोर म्हणटा. सारकें म्हणूंक येना जाल्यार कित्याक घेतात नांवां !
मानयेल : शिरीदोर भोबो तो तूंच तोर.
श्रीधर : न्हय. श्रीधर भोबे.

बायल : जालें आतां! भोबो म्हळें कितें आनी भोबे म्हळें कितें, दार म्हळें कितें आनी दोर म्हळें कितें. अखेर मनीस एकूच. कसलें घेवन बसल्यात ! तो कसलो रेकात घेवन आयला तें पयलीं पळयात.

श्रीधर : तूं मात्शी वगी राव पळोवया ! तो खंय पळून वचना. घरांत भितर आसा. दार म्हळ्यार कितें जालें ? दार म्हळ्यार इतलो रुंद, आनी दोर म्हळ्यार बारीक किडकिडीत. आनी भोबो म्हळ्यार कितें ? भोबो म्हळ्यार तूं रांदनीर करता तो भोबो आनी भोबे म्हळ्यार हांव. म्हजें आडनांव.

मानयेल : मि. भोबो - सॉरी भोबे, म्हुजें कितें चुकलां जाल्यार वायट मांदून घेयनाकाय. म्हुजें मातशें प्रोन्नशेशन घुस्पोता.

श्रीधर : घुसपूं. आनीक घुसपूंक दिवं नाका. हें पळयात, हांव मिस्टर श्रीधर भोबे. आनी ही म्हजी बायल.

मानयेल : म्हुणचें मिसेस भो...

श्रीधर : भोबे !

मानयेल : हां... ! (तिका) glad to meet you.

बायल : कितें म्हळें ?

मानयेल : ...

श्रीधर : आगे इल्ली च्या कर म्हणटा तो. मागीर सांगता खंय अनिलाची खबर. (ती वता) आतां तुमी कितें म्हळें न्हय, ताचो अर्थ कितें ?

मानयेल : तुमकाय इंग्लीश गोमोना ?

श्रीधर : ना पुता ! इंग्लीश शिकूंना हांव. हांव शिकूना म्हणून पुताक शिकोवन लंडनाक धाडलो तिडकीन. पूण हिका हांव म्हजी फ्राकेज दाखोवन दितां ? च्ये ! कितेंय तरी सांगून उडयतां. तशी म्हाका सामकीच कळना अशें न्हय. थोडी थोडी कळटा. लिटल - लिटल (दोगूय हांसतात) पूण तुमी आतां उलयले, ताचो अर्थ कितें म्हळें ?

मानयेल : हँ... ! कोशी आसा काय म्हुणटालों !

श्रीधर : पूण कसो आसा म्हळ्यार - हावरुऽऽ म्हणटात न्हय ?

मानयेल : दोनांयचो मिनींग more or less तोसोच जाता. How are you म्हुणचें तूं कसो आसाय, आनी Glad to meet you म्हुणचें तुका मेवपाक म्हाका चोड खुशी जाता.

श्रीधर : आं... ! (एकदम थारून) आं ? म्हणचें म्हजे बायलेक मेळून तुका चड खोशी जाली ? तू कित्याक आयला ? बेगीन सांग पळोवया. (बायल खाणाची बशी घेवन येता. श्रीधर तिका रागान पळयता.) दवल्लें मीगे? चल आतां भितर. हरशीं सगळी शाणपणां सांगता, परक्या म्हऱ्यांत येवचें न्हय हें कळना ?

बायल : अशें कितें ? हांव हांगा रावल्यार कितें जाता तुमका ? म्हाका आयकूंक नाका दिसता म्हज्या अनिलाची खबर !

श्रीधर : थंय भितर रावून आयकूंक येना ? भायरूच येवंक जाय ? (ती फणफणत भितर वता) हां... आतां सांग. कितें म्हणटा ?

मानयेल : हांव लोंडोणाकसान येयलां.

श्रीधर : फुडें?

मानयेल : हांव तुमच्या आनिलाचो इश्ट.

श्रीधर : अशें ? कसो आसा अनिल ?

मानयेल : एकदोम बोरो आसा. आमी दोगूय एकाच बिल्डीगांत रावतात (बायल च्याव हाडून दवरता. श्रीधर तिका दोळे मोटे करून पळयता. ती वचून दाराकडे उबी रावता)

श्रीधर : आनी कितें रकाद आसा ?

मानयेल : वोय. आनिलान ही चीट दिल्या.

बायल : अनिलाचें पत्र ? दी. (झोपय मारून घेता आनी कुशीक व्हरून वाचता) आयकलां ?

श्रीधर : (वदळाच्या रागान) ना.

बायल : हें पळयलां ? अनिलान खंय हाजेकडेन कितेंतरी धाडलां आनी तांतूंत कितें-कितें आसा खंय .

श्रीधर : कितेंतरी म्हणचें कितें तें बरोवंना थंय ?

बायल : बरयलां. पूण म्हाकां तें बरें लागना. तुमकां लागता जाल्यार पळयात.

श्रीधर : (वाचता) ही चीट घेवन येवपी म्हजो इश्ट. ताचें नांव मानयेल डायस. ताचेकडेन हांवे एक ब्रिकफेस - हें इंग्लेज उतर मगे. हें तुका कळना? (हळूच मानयेलाक) ब्रिकफेस म्हळ्यार कितें ?

मानयेल : ब्रिकफेस न्हो. ब्रिफकेस आसतेलें तें. ब्रिफकेस म्हुटल्यार हें. (बॅग दाखोवन)

श्रीधर : आं. ब्रीफकेस -ब्रीफकेस. तें जाणा आशिल्लों हांव. आगे ब्रीफकेस म्हळ्यार धाकलें बॅग.

बायल : हेंच काय कितें तें बॅग?

मानयेल : वोय.

श्रीधर : (ताचेकडलें बॅग घेवन) बरें आसा न्हय?

बायल : (हातांत घेवन) कपडे बी घालपाक बरें न्हय? इल्लेशें. हांगा घेवंक वतलो जाल्यार कितले दुडू जाय हाका?

श्रीधर : थंय सवाय तें.

बायल : हांगा तीनशें-चारशें पडटले न्हंय?

श्रीधर : चारशें? तूं खंय आसा गे! हांगा मेळचनात असलीं बॅगां。

बायल : खऱ्यानीच? तशें जाल्यार म्हाका लग्नांक व्हरपाक बरें तर ! (उगतें करूंक सोदता) कशें उगडप काय !

श्रीधर : कितें गे ? उगतें करपाक येना ? हाड दी, तें कितें कंड्याचें धांकणें काडटा ? (ताचेकडेन जायना. मानयेलाक) उगतें कशें करप ?

मानयेल : फुडें कितें बरयलां तें पोयलीं वाच. मागीर हांव उगतें कोरूंन दितां.

श्रीधर : वाच गे फुडलें.

बायल : फुडलीं सगळीं तसलींच उतरां आसात. म्हाका येनात तीं वाचूंक.

श्रीधर : दी. हें वाचूंक येना म्हळ्यार हांसतलो कोणूय तुका (वाचता) तातूंत एक नेकलेस -

बायल : नेकलेंस म्हळ्यार कितें ?

श्रीधर : सामकीच मगे तू ! नेकलेस म्हळ्यार कितें तें नकळ ? नेकलेस

म्हळ्यार... लेंस.

बायल : लेंस म्हळ्यार लेंस. तें आनी नेक कित्याक लायलां तर ?

श्रीधर : आगे नेक म्हळ्यार बरे, सुपरीओर, व्हडले, सुळसुळीत येनात? ते.

बायल : आं, अशे माथ्याक बांदतात ते ?

श्रीधर : हय-वय. (वाचता) अेक पार इयरींगा-

बायल : म्हळ्यार ?

श्रीधर : म्हळ्यार रींगां गे, कानांतली.

बायल : आवयस ! कानांतलींय धाडल्यांत ? आनीक कितें धाडलां तें पळयात बेगीन.

श्रीधर : चार बेंगल्स.

बायल : हें आनी कितें ?

श्रीधर : हे आनी कित्याक धाडल्यात काय ? हांगा ना तें धाडपाचें. हांगासल्लीच वस्त हांगाच कित्याक धाडूंक जाय आशिल्ली ताका इतले पयस साकून?

बायल : कितें तें ?

श्रीधर : हॅ... ! बंगालचे फोटो ते.

बायल : आनी कितें आसा पळयात-

श्रीधर : एक लेडीस रीस्ट वॉच.

बायल : लेडी ?

श्रीधर : लेडीस गे, वॉश. वॉश म्हळ्यार धूवप, बायल, कपडे धुवपाक ! पूण ती हातूंत कशी वतली ! (मानयेलाक) ही बायल खंय आसा ?

मानयेल : पोयलीं सोगलें वाचून काबार कोर, मागीर सांगतां.

श्रीधर : एक जेन्ट रिस्ट वॉच, तेंच तें, चुकून दोनदां बरयलां आनी थोडो रोप आसा-म्हणचें कपडे. मिस्टर (चिटीर पळोवन) मानयेल डायस, पत्र वाचून जालें. आतां सांग, ती बायल खंय आसा.

मानयेल : खुंयची बायल ?

श्रीधर : लेडी-वॉश. अनिलान आमका धाडल्या ती.

बायल : इतल्यो वस्ती धाडल्यात. तातुंतली बायलूच तुमका जाय ? आमका नाका बायल-बील कांय. सगळें काम हांवं एकटीच करतली. इतलो तेंप ती लेडी आयिल्ली कितें कपडे धुवपाक ? (मानयेलाक) खंय आसा रे ती बायल ?

मानयेल : तेतुंतूच आसा.

बायल : हातूंत आसा ?

श्रीधर : घडयो करपाची आसतली गे. ओडून लांब करपाची. थंय सगळ्यो वस्ती घडयो करपाच्यो करतात. सत्री पळयना तू ? येदीशी आसता. ओडून इतली लांब जाता. तसल्योच बऱ्यो, वतना खंयूय व्हरुंक सोपे.

बायल : मात्शें उगतें कर पळोवया बॅग. हांव पळयतां कसली बायल ती. केश्ट्यांक धरूंन जमनीर आपटितां.

श्रीधर : (बॅग आपूण घेता) आतां नाका गे. मागीर उगडचें सावकासायेन.

बायल : (दोगांय बॅग ओडटात) म्हाका आतांच पळोवंक जाय.

श्रीधर : हांव उगडटां गे मागीर.

बायल : हांव आताच पळयतली.

श्रीधर : मागीर.

बायल : आतांच (मागीर आतां करून बॅग ओडटात)

मानयेल : जालें तुमचें झोगडोन ? आतां म्हुजें आयकात. त्या बॅगाची चायी म्हुज्यालागीं आसा. बॅग म्हुज्यालागी दियांत. हांव उगतें कोत्तां आनी एक एक वोस्त तुमचेलागीं दितां. (बॅग उगडटा आनी वस्ती काडून रागान दिता.) हें घे सुटाचें लुगोट, हो विस्तीद.

बायल : आंवंय ! हो कोणाक घालूंक धाडलां ?

मानयेल : हीं ईयरींगां.

बायल : विस्तीदाक मॅचींग !

श्रीधर : ती खंय आसा रे ? लेडी !

मानयेल : हें तुजें बेंगाल, ही लेडीज वॉच, ही जेन्टस् वॉच... आनी हो नेकलेस (डबयेंतलो चपलाहार काडून दाखयता)

बायल : (हातांत घेवन) आवयस् ! चपलाहार ! इतलो सुंदर ? इतलो किंमर्त

मानयेल : आनी आतां हांव चोल्लों. थँक्यू. देव बोरें कोरूं.

श्रीधर : बसात मात्शे. ती च्या तरी घेवन चलात.

मानयेल : आसू.

श्रीधर : नाजाल्यार जेवनूच वचात.

मानयेल : थँक्यू वेरी मच. (रागान वता. ती चपलाहार पारखिता.)

श्रीधर : गेलोच ! आगे तो गेलो.

बायल : नवोच मोदेल हो न्हय ?

श्रीधर : रागान गेलो.

बायल : हे हिरे खरेच आसतले न्हय ?

श्रीधर : चपलाहार पळोवन दोले भिलभिल्ले तुजे... आगे तो गेलो.

बायल : कोण तो ?

श्रीधर : तो मानयेल.

बायल : वचूं थंय. ह्या हाराचो प्रेस कितें आसतलो सांगात पळोवया.

श्रीधर : काम जालें वैज मेलो, वैजा हातांत दांडो दिलो. केन्ना आयला? खं रावता? केन्ना वतलो, कांयच सांगिनासतना गेलो. पोराक कितेंय धा येतालें. ताणे धाडून दिल्लो पोटलो मात घेतलो मगे !

बायल : ताका पळयल्यारूच तुमी दोळ्ळे मोटे करतात. हांव आनी उलयतं कशी बाये !

श्रीधर : बाकी तेंय खरें, नदरूच वायट ताची. गेलो तोय बरो जाला. पूण प सांगून गेल्लो जाल्यार बरें जावपाचें. त्या हाराफुडें तुका कांय येवजलेंना. बांद तो आतां गळ्याक, तो विस्तीद घाल, तीं कांकणां, री घाल आनी चल मोडत मोडत.

बायल : शी ! हो विस्तीद हांव घालूं ?

श्रीधर : घाल, घाल. बरी दिसतली. पुतान मुद्दाम धाडला तुका.

बायल : शी ! तुमचें बाये, नाकां जाल्लेंच. ह्या वयार हांवे हो विस्तीद घालपाचो हांव तो मारीयाक दितली. ताका बरो सोबतलो तो ! चपलाहार म्हाव

बरो दिसतलो न्हय ? घालून पळयतां आं कसो दिसता तो ! (भितर वता)

श्रीधर : मुरगट्टा बरी ! जेवंक खावंक क़ांय नाका आतां तुका. तो चपलाहार घालून पोट भरतलें तुजें. (बोल्सांतलें घड्याळ काडटा)... वॉश. (च्यावेची आयदना व्हरून भितर दवरुन येता. फाटोफाट बायल चपलाहार घालून हारशांत पळेत येता.)

बायल : बरो दिसता न्हय म्हाका ? हांगा कोणाचकडे आसचोना असलो. ह्या दिसांनी बेगीन कोणाचें लग्न बी आसा ? आमी वचची आं लग्नाक ! हांव शालू न्हेसतली, पयर केल्या ते तोडे घालतली आनी हो चपलाहार... (उलयतां उलयतां तिची तकली जड जाता आनी घुंवळ येवन पडपाक श्रीधर धरून कदेलीर बसयता)

श्रीधर : आगे कितें जालें तुका? उदक हाडूं? (श्रीधर भितर वचून उदक घेवन येता म्हणसर हळुहळू ती साबुद्दीर येवन उबी राविल्ली आसता. तिची सगळी वागणूक बदलल्या. इंग्लीश बायलेवरी स्टायली मारता.)

बायल : Hai ! How do you do? Glad to meet you. Oh! You are nervous. Why so serious? Come on. Laugh! Come on!

श्रीधर : आगे हें कितें ? खंयच्या नाटकांतलें भाशण पाठ केलां?

बायल : Oof! What are you talking? I don't understand you.

श्रीधर : अं...! पांय कितें उडयता, हात कितें नाचयता? उडून वतली कितें गे लंडनाक पुता म्हऱ्यांत?

बायल : Oh! you talking something strange!

श्रीधर : पुरो गे आतां ते लाग. तुका सोबना तें लेटफेट. शेजारी-पाजारी पळेत जाल्यार पिशें लागलां म्हणटले. बेठेंच वॉकींग-बॉकींग केलें म्हूण इंग्लेज जाता?

बायल : By the way, may I know you?

श्रीधर : पुरो गे आतां ! हें कापड न्हेसून तूं हात वावडून पळय नाचता तें विचित्रूच

दिसता आं. वगीच किंतेंय केलें म्हूण सोबना.

बायल : Oh! My dress! what a dirty one. I want to change it. (सोडूंक वता)

श्रीधर : आगे, हें कितें करता गे हांगा. भितर वचून कर कितें तें.

बायल : My Dress -dressing room (भितर वता)

श्रीधर : इंग्लेज उलयता इंग्लेज! तुवें आनी हांवें इंग्लेज माल्लेली जाल्यार पुताक लंडणाक धाडपाची गरजूच नाशिल्ली. इतली इंग्लेज जाणा जाल्यार वदोळ आयिल्लो ताजेकडेन कित्याक तापयलीना? तेन्ना तोंड धल्लेलें दिसता तुजें. आतां कोणाक म्हाका दाखोवंक कातरता ती तांबडी इंग्लेज? ताका सांगची आशिल्लीं शापोतां. बरो पळयतालो तुका तो बारीक. फोरेनाक वतात आनी सगलें शिकून येतात. आमगेलो आनी गेला तो कितें शिकता कोण जाणा! भलत्याचेच बायलेक घेवन येना जाल्यार पुरो. दुसऱ्यांच्या बायलांचेर नदर दवरपाची चड संवय तांकां, हो पळयना कसो पळयतालो तो, तुकूतुकू करून!

मानयेल : (दारार उबो) मिस्टर शिरी-दोर

श्रीधर : आयलो तूं परतून?

मानयेल : बॅगाची चायी म्हुज्यालागीं उल्ली. घे (चावी दिता) हांव पोरवां वोयतोलों. आनिलान तुमची खोबोर हाड म्हुणोन सांगलां. आनी कितें दिता जाल्यार घेवन यो सांगलां.

श्रीधर : हां... हां.... यो भितर, बसात.

मानयेल : नाकां...हांव बोसोना. हांव पोत्तून येवचो नासलों. म्हुज्या फ्रेंडाचें काम देखून येयलां. केलेंना जाल्यार तो म्हुजेर रागार जातोलो.

श्रीधर : जांव आतां. कितें चुकलें जाल्यार रागार जांव नाकात. बायलांचे समजना तुमकां? नाका आशिल्लें उलयतात आनी आमची तकली वगीच तापता.

मानयेल : बोरें. सांग कितें सांगपाचें तें.

श्रीधर : मात्शे बसात आतां. थंडशे कितें पिवंक हाडटां. सवकासायेन उलोवया.

मानयेल : नाकां, कांयच नाका म्हाका.

श्रीधर : हून हाडूं?

मानयेल : नाका. म्हुज्यान चोड वोगोत बोसोंक जायना. मिसेस भोबो खुंय आसा?

श्रीधर : अं...! आसा भितर आसा - वताच म्हणटात तर तुमी. बरें. चलात तर. आमी सगलीं बरीं आसात म्हणून सांगात.

मानयेल : आनिलाक राग येतोलो म्हुणोन बोसतां मातसो. तिकाय कितें सांगपाचें आसा जाल्यार सांगोदी.

श्रीधर : हांव... हांव पत्रांतूच बरयतां सगलें, दिवपाचेंय कांय ना.

मानयेल : बोरें आसा (वचपाक उठ्ठा, इतल्यान बायल येता. तिणे वदळचो लांब तांबडो विस्तीद घाला, कांकणां, रिंगां आनी घड्याळ, गळ्यांत चपलाहार आसाच.)

बायल : Hai Gentleman ! Glad to meet you. (मानयेलाक हात दिता) How do you do ?

मानयेल : Fine ! Thank you.

श्रीधर : आगे हें कितें ? तुकां पिशें लागलां ? चल भितर. तें कापड न्हेसून यो. हो विस्तीद घालून कितें दांस करपाक आयल्या हांगा ?

बायल : What are you talking !

श्रीधर : शी... शी... विटयलें गे तुवें. आगे परकी मनीस घरांत आयला, आनी तुवें हें कितें चलयलां ? लज. भीड कितें आसा काय ना गे तुका ?

बायल : Oh ! you dirty man. You fire me ? What do you think of yourself ? you know who am I ? You are my servant. Go! Get me wine.

श्रीधर : आरे वा ! तापली ती तापली. इंग्लेजींत तापली.

बायल : Where is your dress ? Why you using this dirty dress? Oh ! I see ! Indian dress ! come on remove it. (पुडवें धरुन ओडटा. तो पुडवें सोडून घेता आनी भितर धांवता)

बायल : (बसता) I want to smoke.

मानयेल : Sure ! (सिगार दिता. मानयेल लायटरान तिचें सिगार पेटयता)

बायल : Thanks ! May I know your name?

मानयेल : मानयेल डायस.

बायल : Very nice. You are so handsome...

श्रीधर : (भायर येत) शी... शी... नाक कातरलें गे तुवें म्हजें. (सिगार काडून भायर उडयता) कसलो सांवार आयला गे तुजेर ? पळून वचशीत मगे ताचे बरोबर !

बायल : You... shut up ! dirty dog ! Get out ! Bring me wine!

श्रीधर : अशी कित्याक पळयता गे राक्षीण कशी ?

बायल : Get me wine ! wine ! wine !

श्रीधर : पयरूच हळदीकुकमाक तुवें वाटल्यांत न्हय गे वायना !

बायल : Oh you ! Get lost ! (धुकलून भितर वता)

श्रीधर : (मानयेलाक) पळयता कितें घुगमाचे दोळे करून ? तुका लागून जालेंना हें सगलें ?

मानयेल : मिस्टर शिरी -

श्रीधर : तोंड घेवन उलोवं नाका आनी फुडे. कसलो जादू केलो कोण जाणा म्हजे बायलेचेर. कितें हाडलां ते दी आनी मेकळो जा. हांगा थंय कित्याक नदर मारूंक जाय आशिल्ली ? बायलेक म्हजे पिशें लायलें-

मानयेल : मिस्टर शिरीदोर, बेश्टोच तापार जायनाकाय. तुजे बायलेक कितें तोरी जालां जावंक जायें.

श्रीधर : आं... ?

मानयेल : वोय मि. शिरीदोर. म्हाका तोसोच दुबाव मात्ता. शांतिकायेन विचार कोरया.

श्रीधर : ... ...

मानयेल : म्हाका सारकें सांग. तुजी बायल खोऱ्यानीच इंग्लीश शिकोंकना ?

श्रीधर : मराठी तिसरेंतूच ती पांच वर्सां उरली खंय. पास जावचीच ना अशें दिसलें तेन्ना हाडून म्हज्या गळ्यांत बांदली. आनी आतां इंग्लेज

उलयता, इंग्लेज.

मानयेल : मि. शिरीदोर. तूं उतरा उतराक तापताय -

श्रीधर : पायां पडटां. म्हाका शिरीदोर म्हणू नाका. तें उतर आयकलें म्हणटकूच म्हाका भिरभिरी मारता.

मानयेल : बोरें आसा. एक सांग. हेज्या पोयलीं ती केन्नाच इंग्लेज उलोवंक नासली?

श्रीधर : चुलीबगर तिणें दुसरें कांयच पळोवंकना. तिका इंग्लेज कॅलेंडर वाचूंक कळना.

मानयेल : तुका इंग्लेज गोमता ?

श्रीधर : आं...? ना. म्हाका म्हजी कोंकणी येता, थोडी मराठी येता, आनी आयकून आयकून मात्शी इंगलेज शिकलां.

मानयेल : तोशें जाल्यार आयक. ती उलोयता ती इंग्लेज अेकदोम फस्ट क्लास.

श्रीधर : म्हणचें ?

मानयेल : एकदोम कारेक्ट.

श्रीधर : कितें म्हणटा रे ?- पूण हें कशें जावं येता ?

मानयेल : हांवूय तेंच चिंत्तालों. ती केन्नाच्यान इंग्लेज उलोवंक लागली ?

श्रीधर : तूं गेल्या उपरांत. तूं भायर गेलो आनी फाटल्यान ही नाचूंक लागली.

मानयेल : म्हाका सारकें सांग. हांव भायर वोयतोच तिणें कितें-कितें केलें ?

श्रीधर : आनी कितें करतली ! पयलो चपलाहार घालो आनी 'हाय-हाय' करीत म्हज्या म्हऱ्यात आयली. म्हाका दिसता ती चपलाहार पळोवनच पिशी जाल्या जावंक जाय. चपलाहार घालतकच घुंवळ पासून आयली तिका. बायलांची जात ती. इतल्या प्रेसाचो चपलाहार आनी तांतूत भायलो. घुंवळ येवपाचीच.

मानयेल : विस्तीद घालतोच घुंव येयली की नेकलेस घालतोच घुंव येयली ?

श्रीधर : ना. चपलाहार घालतकच. विस्तीद तिणे उपरांत घाला.

मानयेल : म्हुटल्यार नेकलेस घालूंक आनी ती इंग्लेज उलोवंक लागली.

श्रीधर : हय.

मानयेल : तोशें जाल्यार... सारकें... सारकें...
श्रीधर : कितें सारकें ?
मानयेल : म्हाका दुबाव माल्लोलो तें.
श्रीधर : कसलो दुबाव ?
मानयेल : त्या नेकलेसाचो.
श्रीधर : नेकलेसाचो दुबाव ?
मानयेल : नेकलेस घातल्या उपरांत तिका इंग्लेज येयली, नेकलेस काडटोच इंग्लेज बोंद जावंक जायी.
श्रीधर : म्हणचें तो नेकलेस जादूचो तर ?
मानयेल : जादूचो न्हय. पूण तोशें जावं येता.
श्रीधर : कितें जावं येता ? नेकलेस काडल्यार ती सारकी जातली ?
मानयेल : जावंक जायी. कोरून पोवया ?
श्रीधर : करून पळोवया न्हय. कितेंय करून हो अवसर एकदांचो काडून उडय. ही अशीच नाचूंक लागली जाल्यार म्हाका मानिकोमांत वचचें पडटलें. हावं तिका घेवनूच येतां हांगा. पूण-चपलाहारूच काडून जातलें मूरे ? काय-
बायल : (येता) Where is the wine ?
मानयेल : Madam, boy is gone to get the wine. Please be seated. Be at ease. (ती बसता) you look pretty in this dress, beautiful !
बायल : Oh dear !
मानयेल : Your necklace is very nice.
बायल : Really ? Thank you. You are very nice dear.
मानयेल : May I wear your necklace for some time?
बायल : How funny you'll look ! come on. take.
(काडून दिता. ती परतून बेशुध्द पडटा. कांय वेळान सारकी जाता.)
बायल : आंवंय ! हांव आनी बाये खंय बसल्या ! (उठ्ठा)

मानयेल : Are you alright madam ?

बायल : (श्रीधराक) कितें उलयतात ते ?

श्रीधर : तुजे कपडे पळय म्हणटा.

बायल : आंवंय ! शी ! हें आनी बाये कितें घालां हांवें ? (लजेन भितर वता)

श्रीधर : मिस्टर मानयेल, ह्या चपलाहारान म्हजे बायलेक लंडणाक व्हरुन हाडली काय कितें ? पूण ही भानगड म्हाका अजून समजुंकना. हो चपलाहार घालतकच इंग्लेज उलोवंक येता ?

मानयेल : ओशें जालें न्होय ?

श्रीधर : तशें जाल्यार इंग्लेज शिकपाची आनी गरज ना तर. इंग्लेज उलोवंक जाय तेन्ना हो गळ्याक बांदचो. मिस्टर मानयेल, दी पळोवया तो चपलाहार. म्हाका इंग्लेज येना हेंच म्हाका एक दूख आसलें, हो चपलाहार गळ्याक बांदतां आनी पोटभर इंग्लेज उलयतां.

(श्रीधर चपलाहार आपल्या गळ्याक बांदता. ताका घुंवळ येता आनी थोड्या वेळान परतून साबुद्दीर येता तेन्ना तोय बायलेवरी स्टायली मारता. बायकी आवाज)

श्रीधर : Hai ! Are you my new servant ?

मानयेल : Yes Sir.

श्रीधर : Sir ? what do you mean ? Am I Sir ?

मानयेल : नो सर.

श्रीधर : Say Madam.

मानयेल : Yes Sir - Yes Madam.

श्रीधर : Is it time to retire ?

मानयेल : No Madam. It is just 12 noon.

श्रीधर : Twelve noon ? Then fetch the wine.

मानयेल : Yes Madam.

श्रीधर : And Boy ! Where is cigarette ?

मानयेल : Here Madam (सिगार दिता) Madam, your dress !

श्रीधर : Oof ! My god ! What's this ? What dress is this ? Who did this ? Where is my topless ? Go and bring. (खुमीस काडटा)

मानयेल : (बेगीबेगीन) Just a minute madam (चपलाहार काडटा. श्रीधर बेशुध्द पडटा... शुध्दीर येता.) मि. भोबो, सारको जालोय ?

श्रीधर : हांव इंग्लेज उलयतालों ?

मानयेल : फोकोत इंग्लेज उलोयनासलोय, बायलेचो ताडो काडून उलोयतालोय. तुजे बायलेवरी तुंवूय स्टायली मात्तालोय, सिगार ओडूंक सोदतालोय आनी सोरो मागतालोय. आनी-

श्रीधर : आनी कितें ?

मानयेल : आनी विस्तीद घालच्याक सोदतालोय.

श्रीधर : विस्तीद ? आरे... हें खोमीस कित्याक काडलें म्हज्या आंगावेलें ?

मानयेल : तुयेंच काडलांय तें. विस्तीद घालच्याक. (श्रीधर सडसडीत खोमीस घालता.)

मानयेल : पूण मि. शिरीदोर, तूं इंग्लेज उलोयतालोय तेन्ना तुका कितें दिसतालेंय?

श्रीधर : कितें दिसतालें म्हणचें ?

मानयेल : म्हुटल्यार तूं खुंय आसा ओशें दिसतालेंय ?

श्रीधर : म्हाका कांयच उगडास ना. हांवे कितें केलां तेंच म्हाका खबर ना. पूण मिस्टर मानयेल, हें अशें कशें जाता ?

मानयेल : तें हांव नोको. पूण फाटल्या दिसानी हांयें लंडणाक एका पेपराचेर वाचलेलें म्हाका उगडास जाता - एका मुनशान खुंय फुटपायरेवोयलो कोट घेतलोलो. तो आंगार घालतोच तो मुनीस मरडर कोत्तालो -

श्रीधर : मरडर म्हणचें ?

मानयेल : म्हुणचें मुनशाक जिवेशीं मात्तालो आनी कोट 'काडलो म्हुणटोच एकदोम बोरो आसतालो. एक दीस तेजे बायलेन तो कोट घातलो, आनी तिणे आपल्या घोवाचो मर्डर केलो.

श्रीधर : आवयस ! पूण राव रे. हें सगलें सामान अनिलान फुटपायरेवयलें घेवन

धाडलां ?

मानयेल : ना, सोगलें सामान तेणे पोयलेंच घेवन दोवोल्लेलें. पूण तो जेन्ना माका पावोवंक ॲरपोर्टार येयलो तेन्ना फुटपायरेर तेका हो नेकलेस दिसलो. तेका तो मानवोलो. तेणे घेतलो आनी बॅगांत घातलो.

श्रीधर : जावं ! तरी बरें कोट बी घेवंना म्हणून - पूण मानयेलबाब, लंडणाक असल्यो जादूच्यो वस्ती फुटपायरेर विकपाक येतात ?

मानयेल : मि. शिरीदोर, ही जादूची वस्त न्होय. हो नेकलेस लंडणाच्या एका मेलेल्या बायलेचो इकूंक हाडलोलो जावंक जावो. ती मेल्या उपरांत तिजें स्पिरीट हेचेर बोसलां आसतेलें.

श्रीधर : स्पिरीट म्हणचे. ?

मानयेल : स्पिरीट म्हणचें... भूत...

श्रीधर : भूत... ? (एकदम चपलाहार जमनीर उडयता आनी मानयेलाक वेंग मारता.)

(सोपलें)

हीं भुरगीं
पांखरां कशीं
आनंद पिशीं
शब्दवनांत
राजहंस
राजहंस वितरण
बऱ्या पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!